गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी- गोंय, 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

जायरात क्र. 7, वर्स 2020

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.08.2020 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी / विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवंक पात्र आसतलेच अशे ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. नॅफ्रॉलॉजींत सहयोगी प्राध्यापक** (Associate Professor in Nephrology) ... 1 पद (दुसरे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) च्या कलम 13 च्या उप कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा

विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम आसूंक जाय. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / शिक्षणीक संस्थेंतल्यान वैजकीशास्त्र डॉक्टरेट (डी.ऍम.) / चिरूरजिया मास्टर (ऍम. सीऍच.) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत शिकोवपाचो / संशोधनाचो उण्यांत उणो चार वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीप : तीन वर्सां कालावधीची वैजकीशास्त्र डॉक्टरेट (डी.ऍम.) / चिरूरजिया मास्टर (ऍम. सीऍच.) ची पदवी प्राप्त उमेदवाराक, पात्रताय पदवी उपरांत उण्यांत उणे तीन वर्सांच्या अणभवाची आवश्यकताय आसा.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** - मराठीचें गिन्यान.

2. **नॅफ्रॉलॉजींत सहाय्यक प्राध्यापक** (Assistant Professor in Nephrology) ... 1 पद (दुसरे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) च्या कलम 13 च्या उप कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खाशा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम आसूंक जाय. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / शिक्षणीक संस्थेंतल्यान वैजकीशास्त्र डॉक्टरेट (डी.ऍम.) / चिरूरजिया मास्टर (ऍम. सीऍच.) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत शिकोवपाचो / संशोधनाचो उण्यांत उणो चार वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीप : तीन वर्सां कालावधीची वैजकीशास्त्र डॉक्टरेट (डी.ऍम.) / चिरूरजिया मास्टर (ऍम. सीऍच.) ची पदवी प्राप्त उमेदवाराक, अणभवाची आवश्यकताय ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** - मराठीचें गिन्यान.